**गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयान स्वातंत्र्य दीस मनयलो**

ता. 17 ऑगस्ट 2021

गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या एनसीसी विभागान 75वो भारतीय स्वातंत्र्य दीस मनयलो. महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ राजेश लोहानी हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो. कार्यक्रमात उत्कृश्ट सेवेखातीर डॉ लोहानी हांचे हस्तुकीं महाविद्यालयाच्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो.

स्वातंत्र्य दिसानिमतान महाविद्यालयाच्या कॅम्पसात झाडां रोवपाचो कार्यक्रम जालो. तशेंच फिट इंडिया धावपाची सर्त जाली.

खेळां अधिकारी डॉ संदेश देसाय, एनसीसी अधिकारी आनंद नाईक, सागर नाईक, प्रो. डॉ पुर्ती सावर्डेकर, सुरेंद्र सोनादन, गजानन सावंत हांचो ह्या वेळार सत्कार जालो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/699

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji